Panaji National 28th September 2026 8.40am

1. सर्जिकल स्ट्रायक आनी ऑपरेशन सिंदूर हांणी भारताच्या आतंकवाद विरोधी धोरणाचें नवें उदाहरण जगासमोर मांडले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

2. आयज सावन सुरू जावपा आशिल्लो तीन दिसांचो देशव्यापी बँक संप स्थगीत केला.

3. शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज नवी दिल्लींत रब्बी हंगाम 2026 चेर दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले.

4. तिरुवनंतपुरमांत जाल्ले पयले वनडेंत भारतान वेस्ट इंडीजाक आठ विकेटींनी हारयलो आनी तीन मॅचींचे माळेंत 1-0 अशी आघाडी घेतली.

PM

भारतीय लश्करान 2016त पाकिस्तानांतल्या आतंकवादी तळांचेर केल्ल्या सर्जिकल स्ट्रायकान भारताच्या आतंकवाद विरोधी धोरणाचें नवें उदाहरण जगासमोर मांडले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. ते काल आकाशवाणीवेल्या 'मन की बात' कार्यावळींत उलयताले.

नियंत्रण रेषेच्या पलीकडे वचून भारतीय जवानांनी ज्या प्रकारे दहशतवादा आड कारवाय केली, तें पळोवन जग आश्चर्यचकित जालें अशें तांणी सांगलें.

चालू आशिल्ल्या जनगणनेचेर उलयतना, मोदी हांणी सांगलें

हालींच देशभरांतल्या लाखांनी तरणाट्यांनी 'नशा मुक्त युवा अभियान' खाला अमली पदार्थ आनी व्यसना आड एक म्हत्वाचो संकल्प केला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. 'नशा मुक्त युवा अभियान' 100 आठवडे चलतलें अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

सणासुदीच्या काळात 'व्होकल फॉर लोकल' हो मंत्र लक्षात दवरपाचे आवाहन मोदी हाणी केले.

Bank Strike

आयज सावन सुरू जावपा आशिल्लो तीन दिसांचो देशव्यापी बँक संप स्थगीत केला. 'ऑल इंडिया बँक एम्प्लॉईज असोसिएशन'ने (AIBEA) हाजी पुष्टी केल्या. 'इंडियन बँक्स असोसिएशन' (IBA) बरोबर जाल्ल्या समजिकाये उपरांत हो निर्णय घेतला. IBA आणि 'युनायटेड फोरम ऑफ बँक युनियन्स' (UFBU) हांच्या मंदी काल राती संपा संबंदीत मुद्द्यांचेर जाल्ले बसके उपरांत हो निर्णय घेतला अशें AIBEA न सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलां.

Rajnath Defence

भारताक दुसऱ्या खंयच्याय देशाचो भूभाग बळकावपाची इच्छा ना, पूण धोको निर्माण जाल्यार देशाची सुरक्षा आणि धोरणात्मक स्वायत्तता हाचे रक्षण करतले अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान सांगलें. नवी दिल्लींत एका प्रसारमाध्यम संस्थेन आयोजीत केल्ल्या संरक्षण परिषदेंत ते उलयताले. भारता विरोधात दहशतवादाक प्रोत्साहन दिवपी खंयच्याय देशा बरोबर संवादाक वाव आसूंक शकना, असे संरक्षण मंत्र्यांनी स्पष्ट केले.

मंत्र्यांनी संरक्षण क्षेत्रांत आत्मनिर्भरतेच्या दिशेन भारतान केल्ल्या लक्षणीय प्रगतीचेर उजवाड घालो. भारताची संरक्षण निर्यात 2013-14 वर्सा फकत 686 कोटी रुपया आशिल्ली ती 2025-26 वर्सा विक्रमी 38,424 कोटी रुपया जाल्या आनी भारतीय संरक्षण उत्पादनांची निर्यात 100 परस चड देशांनी जाता अशे तांणी सांगले. भांडवली संपादन अर्थसंकल्पातली सुमारे 75% रक्कम, म्हणजेच 1.39 लाख कोटी रुपया, देशांतर्गत संरक्षण उद्योगा कडल्यान खरेदी खातीर राखून दवरिल्ल्याचे तांणी नमूद केले.

Seva Sankalp

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सा पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, एक जिल्लो, एक उत्पादन वरवी हो दृष्टिकोन

कृतीत कसो हाडलो हाचे एक उदाहरण आम्ही सादर करता. भारतांतल्या जिल्ह्यांची अर्थव्यवस्था जायते फावट अविभेदित उरल्यो. स्थानिक उत्पादनांक आनी हस्तकलेच्या वस्तूंक ब्रँडिंग, मोठ्या प्रमाणांत उत्पादन करपाची क्षमता आनी बाजारपेठे मेरेन पावप हांचो अभाव आशिल्लो. मूल्यसाखळ्यो कमकुवत आशिल्ल्यो आनी कारागिरांचें उत्पन्न उणें आशिल्लें.

दरेक जिल्ह्यान ज्या उत्पादनात तो पयलींच्यान सर्वोत्तम आशिल्लो, ते निवडले –ते एखादे कापड आसूं, फळ आसूं, हस्तकला आसूं वा धान्य आसूं. त्या एका उत्पादनाखातीर राज्य सरकारान ब्रँडिंग, भौगोलिक संकेत (GI Tag), ई-कॉमर्स आनी निर्यातीखातीर मदत उपलब्ध करून दिली.

ज्या जिल्ह्यांक आपली स्वतंत्र आर्थिक ओळख नाशिल्ली, तांकां एक नवी ओळख मेळ्ळी. कारागीर आनी शेतकरी स्थानिक बाजारपेठेच्या पलीकडल्या बाजारपेठे मेरेन पावपाक लागले–आनी तेंय आपल्या घरांतल्यान भायर सरी नासतना.

SHIVRAJ- RABI CAMPAIGN

शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज नवी दिल्लींत रब्बी हंगाम 2026 चेर दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. येता त्या रब्बी हंगामाची तयारी आनी महत्वाच्या प्राधान्यक्रमांचेर चर्चा करपाखातीर शेती आनी शेतकार कल्याण खाते ही परिषद आयोजीत करता. शेती मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां, ह्या दोन दिसांच्या परिषदेंत केंद्र आनी राज्यांमदले समन्वय घट्ट करपाचेर आनी शेती उत्पादन, उत्पादकता, शाश्वतता आनी शेतकऱ्यांचें उत्पन्न वाडोवपाखातीर समन्वयीत आनी परिणाम-केंद्रित धोरण तयार करपाचेर भर दितले.

Portal launch

पशुपालन आनी दुग्धव्यवसाय खाते आयज नवी दिल्लींत पशुधन विमो पोर्टल सुरू करतले. केंद्रीय मत्स्योद्योग, पशुपालन आनी दुग्धव्यवसाय मंत्री राजीव रंजन सिंह ह्या पोर्टलाचें उक्तावण करतले. देशांत पशुधन विमो सेवांचें डिजिटल परिवर्तन करपाच्या दिशेन हें एक म्हत्वाचें पावल आसतलें. मत्स्योद्योग, पशुपालन आनी दुग्धव्यवसाय मंत्रालयान सांगलें, हें पोर्टल पशुधन विमाखातीर एकच, एकात्मिक डिजिटल व्यासपीठ उपलब्ध करून दितलें.

SC UPI

सर्वोच्च न्यायालय आज 2,000 रुपयांपेक्षा चड रकमेच्या विशिष्ट UPI व्यक्ती-ते-व्यापारी व्यवहारांचेर मर्चंट डिस्काउंट रेट (MDR) लागू करपाच्या केंद्राच्या निर्णयाक आव्हान दिवपी याचिकेचेर सुनावणी घेतले.

भारताचे सरन्यायाधीश न्यायमूर्ती सूर्यकांत आनी न्यायमूर्ती जॉयमाल्य बागची तशेंच न्यायमूर्ती व्ही. मोहना हांचें खंडपीठ ह्या याचिकेचेर सुनावणी घेतले. वकील अंजन दत्ता हांणी दाखल केल्ल्या जनहित याचिकेन (PIL) केंद्र सरकाराच्या ह्या निर्णयाक आव्हान दिलां. पुरेशे कायदेशीर संरक्षण, पारदर्शकता वा भौशीक सल्लामसलत नासतना हें शुल्क लागू केलां, असो आरोप ह्या याचिकेंत केला.

IAF

भारतीय वायुसेनेन जोधपूरांतल्या वायुसेना स्टेशनाचेर 'तरंग शक्ती 2026' सरावाचो कार्यप्रणाली टप्पो सुरू केला. फुडल्या म्हयन्याच्या 12 तारखे मेरेन चलपा आशिल्ल्या ह्या सरावाची संकल्पना "भागीदारीतले सामर्थ्य" हि आसा.

Cricket

तिरुवनंतपुरमांत जाल्ले पयले वनडेंत भारतान वेस्ट इंडीजाक आठ विकेटींनी हारयलो आनी तीन मॅचींचे माळेंत 1-0 अशी आघाडी घेतली. 296 धांवड्यांचे आव्हान घेवन मैदानार देंविल्ल्या भारतान 41.4 ओव्हरींत 2 विकेटी वगडावन 300 धांवड्यो काडीत जैत मेळयलें. भारताच्या या जैतांत विराट कोहलीन नाबाद १३९ धावड्यांची महत्वाची खेळी केली.

Weather

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक आणि उत्तराखंडात मुसळधार पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.